Panaji

Regional News

17 April 2026,7.20pm

## नारी शक्ती वन्दन

नारी शक्ती वन्दन अधिनियमन विधेयकाक विरोधी पक्षांनी तेको दिवचो अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. हे विंशी विरोधी पक्षातल्या फुडाऱ्यांक पत्र बरोवन सुध्दा संबंधित मागणी केल्याची म्हायती तांणी दिल्या. हे एक इतिहासिक विधेयक आसुन तांतुन विरोधकांनी राजकारण हाडचे न्ही अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. बायलांक राजकी आरक्षण दिवपी हे विधेयक आसुन हांतुन विकसित बारताच्या जडण घडणीत बायलांक निर्णय प्रक्रियेत वाटो घेवपाक संद मेळटली अशे मत मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार व्यक्त केला.

## G- food fest

गोंयच्या खाणा जेवणा ही पुश्टीक आनी घटमुट भलायीक शाबुत दवरपी आसा. ताका लागुन भलायेकची इबाड करपी जिन्नस सोडुन पारंपरीक गोंयचे जिन्नस खावप महत्वाचे,डोयबेटीस , तशेंच डायलेसिसाच्य दुयेसांचे प्रमाण पुश्टीक खाण्याच्य उणावा खातीर वाडला अशे मुखेमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. करीयन लोकांनी जशे तांची खाद् संस्कृती संसराभर पामाद केली, तशेचं गोंयकारांनी गोंयची खाद्यसंस्कृती फामाद करप , ताचो पुश्टीक महत्व संसराक पटोवन दिवचे. हे काम गोंयची बायला बरी करुक शकता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज G- food fest चे लोकभवानच्या सबाघरात उक्तावण जाले.,गोंयची पारंपारीक खाणा जेवणा,जिन्नसाक, हस्तकलेक मार्केट दीवपाच्या हेतान goa state rural livelihood mission हो उपक्रम घडोवन हाडला. ह्या महोत्सवा वरवी गोंयच्या आप मजत गटांनी केल्यो वस्तु, जिन्नस खरेदी विक्रि माचयेचे आयोजन केला.

गोंयकारांनी पारंपरीक वेवसाय तिगोवन दवरप महत्वाचे, नुस्तेमारी आसु ना जाल्यार शेती, गोंयकारांनी ती तिगोवन दवरची, ना जाल्यार गंयाभायंले लोक ह्या वेवसायत येतले आनी एका वेळार आमी पिकावळ घेवपी ही पिका ह्या गोंयाभायल्या लोकांकडल्यान आमका विकत घेवची पडटले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

ह्यावेळार रान म्हामंडळाची अध्यक्षा दोतोर देविया राणे, गोंय ग्रामीण उदरगत यंत्रणेची दक्षीण गोंयची संचालक दिपाली नायक, तशेच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

## मंत्रिमंडळ बसका

पालिका वेचणुके सयत सगल्यो थळाव्यो वेचणुको घेवपाचे अधिकार राज्य वेंचणूक आयोगाक दिवपी अध्यादेशाक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या. हाका लागून आता पुराय नगरपालिका वेंचणुको लांबणेर पडपाची शक्यताय आसा.

मंत्रीमंडळ बसके उपरांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ही म्हायती दिली. मंत्रीमंडळ बसकेंत हो अध्यादेश समंत जाला. हातूत पालिका, पंचायत, जिल्लो पंचायत ह्यो सगल्यो थळाव्यो वेचणुको घेवपाचे सगळे अधिकार राज्य वेचणूक आयोगाक दिल्या.

थळाव्या संस्थांचे सगळे अधिकार आयोगा कडेन दिवपाची पयलीं सावन मागणी आशिल्ली. ही मागणी मान्य जाल्या. हाका लागून नगरपालिका वेंचणूको मे म्हयन्यात जावप शक्य ना.

इतलेमजगती आरक्षण आनी वॉर्ड मर्यादा करपा खातीर आयोगाक वेळ लागतलो. ताका लागून वेंचणूक फुडें धुकलपाची शक्यताय आसा अशे मत ॲडव्होकेट जनरल देवीदास पांगम हांणी व्यक्त केला.

## Rohan Khaunte

शॅकाखातीर एका केटेगरीचो परवानो घेंवन भलतेच केटेगरीचे म्हणल्यार शिल्लया परवान्याच्य जाग्यार चड क्षमतायचे वेवसाय करपी वेवसायिकांचेंर खर कारवाय जातली. काय शॅक, हॉटेल वेवसायिक कमी दर्जाची केटेगरीचे परवानगे घेंवन दुसऱ्या केटेगरीचे वेवसाय करता अशे पर्यटन खात्याक कळुन आयला. अशी बेकायदेशीरपणेंचेर कारवाय करपाक पर्यटन खात्यान खासा समिती नेमल्या. ह्या समितीचो अहवाल काय दिसांनी येतलो. गोंयचे वेवसायिक नेम पाळटात, मात गोंयाभायले वेवसायिक हे नेम पाळीनात अशे दिसता. काय जाण नेंदणी करीनात, काय जाण सी.आर.झेड नेम पाळिनात. हाचेखातीर ह्यानफुडे अशा वेवसायिकांचेंर खर कारवाय जातली अशी शिटकावणी पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या.

## तियात्र अकादमीवतीन तियात्र दीस मनयलो

मडगांव: १७ एप्रिल १८९२ ह्या दिसा लुकासिन रिबेर हांणी इतालियन भुरगो हो पयलो कोंकणी तियात्र मुंबय हांगा माचयेर हाडलो. ह्या दिसाचो उगडास म्हूण हो दीस तियात्र दीस म्हूण मनयतात. आयज त्या निमतान गोंय तियात्र अकादमीन पणजे कार्यावळ घडोवन हाडली. ह्यावेळार उलयताना नामनेच्यो गायिका हेमा सरदेसाय हांणी तियात्र ही गाेंयची वळख जावन आसा. आनी ही वळख संवसारभर पावपाची गरज तांणी उक्तायली.ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हूण म्हालगडे तियात्रिस्त तोमाझीन कार्दोज हे हाजीर आशिल्ले. तांचे हस्तुकी सर्गेस्त लुकासिन रिबेर, पाय तियात्रिस्त जुवांव आगुस्तीन फर्नांडिस, कोंकणी तियात्रातली पयली बायल कलाकार आशिल्ल्यो रेजिना फर्नांडिस हांच्या फोट्याक हार घालून अार्गां ओंपली. तियात्र दीस हो साबार तियात्रिस्तांखातीर एक पर्वणेचो दीस जावन आसा. आनी ह्या दिसाकडेन खंयच्यान तियात्रिस्तान आडनदर करपाक जायना अशें तांणी सांगलें. ह्यावेळार म्हालगडे तियात्रिस्त सी. डिसिल्वा, तियात्राचेर अभ्यास करपी फा. लुईस गोम्स, गोंय तियात्र अकादमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा तसेच अकादमीचे वांगडी सचिव डॉ. कार्लुस फर्नांडिस हे हाजीर आशिल्ले.

## मंत्री सुभाष फळदेसाय

समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी व्हॉट्सअॅप आनी कॉल वरवीं झटपट म्हायती दिवपी “दिव्यसाथी” चॅटबॉट सुरू केल्ल्याची घोशणा आयज केली. ह्या यंत्रणेवरवी अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तीं खातीर कल्याणकारी येवजण्यांवीशी म्हायती मेळटली,तशेंच ताचो लाव घेवपाक मेळटलो. तशेंच अशा व्यक्तीच्या कागाळींचेर विनाशिलतायेन निवारण करपाक मेळचें म्हणून “न्याय पोर्टल” सुरू केल्याचेय मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी जाहीर केला.

ह्या यंत्रणेवरवी दीव्यांग तशेंच अपंगत्व आशील्ल्या मनशांक वेगवेगळ्या येवजण्याची पात्रतायेवीशी म्हायती मेळटली,तशेंच फॉर्म डाउनलोड करपाक मेळटले आनी कार्यालयांक भेट दिनासतना ऑनलायन अर्ज करपाक मेळटले.

## बूस्टर पंप चालीक

मडगांव: नावेली मतदारसंघांतल्या मड्डी-मांडप हांगाच्या शनि देवळा लागसार उदका पुरवण खात्यान बसयिल्ल्या बूस्टर पंपाचें नावेलीचे आमदार आनी कदंब महामंडलाचे अध्यक्ष उल्हास तुयेकार हांणी उक्तावण केलें. ह्या बूस्टर पंपाचो सुमार 60 घरांक फायदो जातलो. ह्या बूस्टर पंपाक लागून उदकाची पुरवण सुटसुटीत जातली आनी हाका लागून ह्या वाठारांतल्या घरांक

गिमाळयांत सुरळीत उदकाची पुरवण जातली.मड्डी हांगाचो हो वाठार  उंचायेचेर आसून त्या वाठारांतली उदकाची पुरवण ते खातीर सारकी जाय नाशिल्ल्यान थळाव्या लोकांनी हांगा बूस्टर पंप बसोवपाची मागणी केली. ते प्रमाण हो बूस्टर पंप 2.5 लाख रुपया खर्च करून तो बसयला आनी ह्या उंचेल्या वाठारांतल्या 60 घरांक ह्या बूस्टर पंपाक लागून उदकाची पुरवण सुटसुटीत जातली अशें तुयेकार हांणी हे प्रसंगाचेर सांगलें. ह्या वेळार थळावे पंच दामोदर चव्हाण, उदका पुरवण खात्याचे पालवी अभियंते प्रदीप देसाय, शनि मंदिर देवस्थानाचो अध्यक्ष दिलीप  चव्हाण, भाजपाच्या नावेली मंडळाचो सरचिटणीस दीपक सावंत हाजीर आशिल्ले.

“प्रयोगसांज

कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या “प्रयोगसांज” कार्यक्रमात फाल्या शेनवार ता. 18 एप्रिल 2026  दिसा सांजेच्या 6.30 वरांचेर बहुउद्देशीय सभाघर, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा “धी टॉम्ब” हे मुकनाट्य सादर करपात येतले.

“धी टॉम्ब” ह्या मुकनाट्याची संकल्पना आनी वेशभूषा राजरत्ना कौशल्य हांची आसून आवाज येवजण निखील म्हार्दोळकर, उजवाडा येवजण मार्क फर्नांडिस, रंगभूषा वेझील मोटा हांची आसा.ह्या सादरीकरणात वेझिल मोटा, रूही सामंत, वेदांत बांदोडकर आनी राजरत्ना कौशल्य हांची भुमिका  आसा.

हवामान

हवामान खात्यान आयज नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान। 34.2 अंश सेल्सिअस तापमान जाल्यार उण्यांत उणे। 25.3      अंश सेल्सिअस तापमानाची नों द जाल्या. मुरगांवांत चडांत चड।34     अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणे।  2 5.6      अंश सेल्सिअस तापमानाची नोंद जाल्या.

फुडल्या स दिसांत गोंयांतलें चडांत चड तापमान।  ३ ३      ते।  34 अंश सेल्सिअस मेरेन जाल्यार उण्यांत उणे तापमान। 24 ते। 25 अंश  सेल्सिअस मेरेन उरपाची शक्यताय आसा.तापमान सरासरीपरस चड वाडपाची शक्यताय आशिल्ल्यान लोकांनी जतनाय घेवची, वतांत चड भायर सरचें न्हय, सुती कपडे वापरचे, वता सावन तकलेचें संरक्षण करचें असो सल्लो हवामान खात्यान दिला.